**प्रधानमंत्री मोदी हांणी केंद्र पुरस्कृत येवजणांच्या लावधारकांकडेन संवाद साधलो**

ता. 31 मे 2022

देशाचे प्रधानमंत्री श्री. नरेंद्र मोदी हांणी आयज गोंय राज्यांतल्या केंद्र पुरस्कृत कल्याणकारी येवजणो आनी उपक्रमांच्या लावधारकांकडेन संवाद साधलो. आझादी का अमृत महोत्सवाचो भाग म्हूण शिमला, हिमाचल प्रदेश हांगा आयोजीत गरीब कल्याण संमेलनाच्या माचयेवयल्यान व्हिडिओ कॉन्फरन्सिगच्या माध्यमातल्यान प्रधानमंत्र्यानी केंद्र पुरस्कृत येवजणांच्या लावधारकांकडेन संवाद साधलो. हिमाचल प्रदेश राज्याचे राज्यपाल श्री. राजेंद्र आर्लेकार ह्या वेळार उपस्थित आशिल्लें.

उत्तर गोंयांत पणजे मिनेझिस ब्रागांझा संस्थेच्या सभाघरांत जाल्यार दक्षीण गोंयात मडगांवां रविंद्र भवनात गरीब कल्याण संमेलनाच्या व्हिडिओ कॉन्फरन्सिगची वेवस्था केल्ली.

केंद्र पुरस्कृत येवजणांच्या लावधारकांकडेन संवाद साधले उपरांत उलयतना प्रधानमंत्री श्री. नरेंद्र मोदी हांणी म्हणलें, पयली लोककल्याणकारी सरकारी येवजणो जाय तशों आनी सोपेपणी लोकांमेरन पावनासल्यो, पुण आयज लोककल्याणकारी सरकारी येवजणो लोकांमेरेन सोपेपणी पावतात आनी लोक तांचो पुरेपूर लाव घेतात. आयज स्टार्टअप सारख्या येवजणांचो लाव सोपे जाल्ले आसा. आता येवजणांचे पयशें थेट लावधारकांच्या बँक खात्यात जमा जातात. अशें जाल्ल्यान मध्यस्थांकडल्यान गरीब लावधारकांची फसवणूक जावपाचे बंद जाला, अशें प्रधानमंत्र्यानी सांगलें.

सरकारी येवजणांचो लाव गरजू लोकांक जावचो म्हूण वेवस्थेत योग्य बदल केल्लो आसा. आयज सरकार नव भारत निर्माण करपा खातीर वावर करता. आत्मनिर्भर भारताचे उद्दीश्ट साध्य करपा खातीर लोककल्याणकारी येवजणांची यशस्वीपणान अंमलबाजावणी करपात येता. सबका साथ, सबका विस्वास हो मंत्र घेवन सरकार विकासाची पावलां मारता, अशें श्री. मोदी हांणी सांगलें.

ह्या वेळार मोदी हांणी 21,000 कोटीचो किसान सम्मान निधी येवजणेच्या अकराव्या हप्त्याची 21,000 कोटीची रक्कम लवधारकांच्या बँक खात्यात जमा केली.

पणजे मिनेझिस ब्रागांझा संस्थेच्या सभाघरांत सुरवातीक मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी गोंयांतल्या केंद्र पुरस्कृत येवजणांच्या लावधारकांकडेन संवाद साधलो आनी गोंयच्या हेर पात्र लोकांनी केंद्र पुरस्कृत येवजणांचो लाव घेवपाखातीर फुडें येवपाचो उलो मारलो.

पर्यटनमंत्री श्री. रोहन खंवटे, नुस्तेमारीमंत्री श्री. निळकंठ हळर्णकर, ईडीसीचे अध्यक्ष श्री. सदानंद शेट तानावडे, मयेचे आमदार श्री. प्रेमेंद्र शेट , बंदर खात्याचे सचीव पी. एस. रेड्डी, ग्रामीण विकास सचीव संजय गिहार, नगर विकास सचीव रमेश वर्मा आनी हेरांची ह्या वेळार उपस्थिती आशिल्ली.

मडगांवां संवाद कार्यक्रमाक येरादारी मंत्री माविन गुदिन्हो, उदकास्त्रोत मंत्री सुभाष शिरोडकर, खेळांमंत्री श्री. गोविंद गावडे, वीज मंत्री श्री. सुदीन ढवळीकर, समाज कल्याण मंत्री सुभाष फळदेसाय, एनआरआय आयुक्त नरेंद्र सावईकर आनी हेर उपस्थित आशिल्लें.

सुरवातीक येरादारी मंत्री माविन गुदिन्हो हांणी केंद्र पुरस्कृत येवजणांच्या लावधारकांकडेन संवाद साधलो. खेळांमंत्री श्री. गोविंद गावडे हांणीय उपस्थितांक मार्गदर्शन केलें.

जिल्हाधिकारी श्रीमती ज्योती कुमारी हांणी उपस्थितांक येवकार दिलो.

प्रधानमंत्री किसान सम्मान निधी, प्रधानमंत्री उज्ज्वला येवजण, पोशण अभियान, प्रधानमंत्री वेदना येवजण, स्वच्छ भारत अभियान, जल जीवन अभियान, अमृत योजना, स्वनिधी योजना, एक राष्ट्र-एक रेशनकार्ड, प्रधानमंत्री गरीब कल्याण अन्न येवजण, आयुषमान भारत, मुद्रा येवजण आनी हेर येवजणांच्या बाबतीत प्रधानमंत्र्यानी लावधारकांकडेन संवाद साधलो.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2022/384

--
Issued by Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity
3rd Floor, Udyog Bhavan,
Near Azad Maidan, Panaji